केंद्रानं तमिळनाडूंत दोन मुखेल इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन क्लस्टर सुरू करपाची घोशणा केल्या.

संवसारीक अर्थीक कंपनी मॉर्गन स्टॅनली हांणी आपल्या अहवालांत सांगलां,भारत 2028 मेरेन जर्मनीक फाटी घालून संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जातली.

फुडल्या वर्सा प्रजासत्ताक दिसा निमतान जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-2026 खातीर नामांकनां कालच्यांन सुरू जाल्यात.

हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या वेगवेगळ्या सुवातींनी खर कालोराच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला.

बायलांचे प्रिमीयर लिगचे (डब्ल्यूपीएल) फायनलींत मुंबय इंडियन्सान दिल्ली कॅपिटल्साक 8 धांवड्यांनी हारोवन दुसरे खेपे वस्तादपण जोडलें.

**Vaishnaw – 195**

केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी तमिळनाडूंत दोन मुखेल इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन क्लस्टर सुरू करपाची घोशणा केल्या.1,112 कोटी रुपयांची गुंतवणूक करून हे क्लस्टर पिल्लई पक्कम आनी मनल्लूर हांगा स्थापन करतले. जागतिक इलेक्ट्रॉनिक्स सिस्टम डिझाइन आणि मॅन्युफॅक्चरिंग (ESDM) क्षेत्रात भारताची सुवात घटमूट करप हो हे उपक्रमाचो हेत आसा. काल चेन्नयांत ज़ेटवर्क इलॅक्ट्रॉनिक्साच्या नव्या उत्पादन युनिटाच्या उक्तावण वेळार ही घोशणा केल्या. तमिळनाडूच्या इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन उद्देगाक चालना दिवपाक आनी 5 ट्रिलियन डॉलर इलॅक्ट्रॉनिक्स प्रणाली डिझायन आनी उत्पादन बाजारपेठ मेळोवपाच्या भारताच्या महत्वाकांशा साध्य करपाक 15 एकरांच्या युनिटाची म्हत्वाची भुमिका आसतली अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

अंदु वर्सा भारतांत तयार केल्ले पयले चिप जारी करतले अशें केंद्रीय रेल्वे, म्हायती आनी प्रसारण, आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. चेन्नयांत काल आयआयटीच्या विद्याथ्यां कडेन संवाद सादतना तांणी सांगलें की फुडल्या दोन वर्सांत भारतांत तयार केल्लीं चार चिप्स जारी करतले आनी भारताक टेस्ला फोक्सवॅगनाक आनी तशेंच संवसारांतल्या खंयच्याय वाठाराक मेड इन इंडिया चिपांची पुरवण करपाक मेळटली. सध्या भारतांत पांच सेमी कंडक्टर बांदपाचे काम

सुरू आसात अशें तांणी सांगलें. एका विद्यार्थ्यान विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना तांणी एआय तंत्रगिन्यान शेतकी मळार खूब उपेगी पडटा अशें सांगलें आनी तें चालीक लावपाक येसस्वी जाल्ल्या महाराष्ट्रांतल्या एका शेतकाराचोय तांणी उल्लेख केलो.

**Morgan Stanley – 135**

संवसारीक अर्थीक कंपनी मॉर्गन स्टॅनली हांणी आपल्या अहवालांत सांगलां,भारत 2028 मेरेन जर्मनीक फाटी घालून संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जातली. अहवाला प्रमाण २०२३त ३.५ ट्रिलियन डॉलर्स आशिल्ली भारतीय अर्थव्यवस्था २०२६ पर्यंत ४.७ ट्रिलियन डॉलर्सपर्यंत वाढपाचो अंदाज आसा. मॉर्गन स्टॅनलीच्या मतात, भारताची अर्थव्यवस्था २०२८ मध्ये ५.७ ट्रिलियन डॉलर्सपर्यंत वाडतली आनी ती जर्मनीच्या फुडें वतली. अहवालात असेय म्हळां की भारत जगातली सगळ्यांत चड मागणी आशिल्ली गिरायक बाजार म्हणून मुखार येता आणि ताचे जागतिक आर्थिक क्रमवारीतुय लक्षणीय सुधारणा जाल्या.

भारतीय जनता पक्षान म्हळां की ही असाधारण वाढ योगायोग न्हय तर साबार वर्साच्या दूरदर्शी फुडारपणाचे आणि धाडसी आर्थिक सुधारणांचे परिणाम.

**PM – 70**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी लोकांक आज प्रसारित जावपी लेक्स फ्रिडमन बरोबरची तांची पॉडकास्ट मुलाखत आयकूपाचे आवाहन केला. मोदीं हाणी सोशल मीडिया पोस्टत म्हळां, तांणी फ्रीडमन हांचे कडेन उत्तम चर्चा केली. ह्या संवादांत मोदी हांचे भुरगेपण, हिमालयांतलीं वर्सां आनी भौशीक जिणे सयत साबार मुद्दयांचेर चर्चा जाली. प्रधानमंत्री मोदी कडेन तीन वरां पॉडकास्ट संवाद सादलो अशें फ्रीडमन हांणी सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी सांगलें, हें आपल्या जिवितांतलो सगळ्यांत प्रभावशाली संवाद.

**Padma awards – 35**

फुडल्या वर्सा प्रजासत्ताक दिसा निमतान जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-2026 खातीर नामांकनां कालच्यांन सुरू जाल्यात. पद्म पुरस्कारा खातीर नामांकनाची निमाणी तारीख आसा 31 जुलय. पद्म पुरस्कारा खातीर नामांकनां आनी शिफारशी फकत राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टलाचेर स्वीकारतले.

**MANDAVIYA FIT INDIA CARNIVAL - 105**

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मंसुख मांडवीया आयज नवी दिल्लीच्या जेएलएन स्टेडियमांत फिट इंडिया कार्निवालाचें उक्तावण करतले. तीन दिस चलपी या फिटनेस आणि वेलनेस फेस्टिव्हलचे उद्दिष्ट निरोगी आणि सक्रिय जीवनशैलीक प्रोत्साहन दिवप आसा, जे फिट इंडिया चळवळीच्या तंदुरुस्त, निरोगी आणि लठ्ठपणामुक्त राष्ट्राच्या दृष्टिकोना कडेन सुसंगत आसा. या काळात, दोरी उडी,क्रिकेट बॉलिंग, arm wrestling आनी स्टेशनरी साइकिलिंग सारकिले खेळ

आयोजीत करतले. तशेंच ह्या उक्तावण सुवाळ्यांत युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा खडसे आनी बॉलिवूड अभिनेतो आयुष्मान खुराना हाजीर आसतली. ह्या काऱ्यक्रमांत येता त्या खेळो इंडिया पॅरा गेम्साचो लोगो आनी एंथमचे अनावरण जातले. खेळो इंडिया पॅरा गेम्स ह्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक राष्ट्रीय राजधानींत सुरू जातले.

**BIS – 115**

भारतीय मानक ब्युरो (BIS) न लखनऊ, गुरुग्राम आणि दिल्ली ह्या सारक्या शारांनी Amazon आणि Flipkart सारख्या आघाडीच्या ई-कॉमर्स प्लॅटफॉर्मच्या साबार गुडावाणी शोध आणि जप्तीची कारवाय केल्या. असुरक्षित आणि अप्रमाणित उत्पादनांचे वितरण थांबवप हो ह्या मोहिमेचो उद्देश आसा. निरिक्षण करतना बीआयएसाक दिसून आयलां की ऍमेझॉन, फ्लिपकार्ट, मीशो, मिंत्रा, बिग बास्केट ह्या ई-कॉमर्स प्लॅटफॉर्मांचेर जायतीं अप्रमाणीत उत्पादनां विकतात. पूण ह्या उत्पादनांचेर बीआयएस चिन्न सक्तीचें आसता. ही अप्रमाणित उत्पादनां गिरायक सुरक्षेक धोको निर्माण करतात कारण तांची स्वतंत्र तिसऱ्या पक्षान चांचणी करूंक ना.

बीआयएस गिरायकांक बीआयएस केअर ॲपचो वापर करून माहितीपूर्ण खरेदी निर्णय घेवपाचे आवाहन करता. हे ॲप गिरायकांक उत्पादन संबंदी म्हत्वाची म्हायती दिता. कागाळी दाखल करपा खातीरय ह्या ॲपाचो वापर करूं येता. बाजारांत उपलब्ध आशिल्ल्या गिरायक उत्पादांचेर बीआयएस सतत लक्ष दवरता.

**Telangana – 85**

तेलंगणांत बंदी घाल्ल्या भारतीय कम्युनिस्ट पार्टी - माओवादी पक्षाच्या 64 वांगड्यांनी काल पुलीस महानिरीक्षक, मल्टी झोन-वन चंद्रशेखर रेड्डी आनी भद्रद्री कोठागुडेम जिल्हो पुलीस अधीक्षक रोहित राज हांचे मुखार स्वेच्छेन आत्मसमर्पण केले. आता फाटल्या दोन म्हयन्यांत शरण आयिल्ल्या माओवादींचो आंकडो 122 मेरेन पावला. शरण आयिल्ल्या लोकां मदीं 48 दादले आनी 16 बायलो आसात अशी म्हायती आयजीपीन मिडियाक दिल्या

**RBI – 45**

ब्रिटनांतल्या सेंट्रल बँकिंगान डिजिटल ट्रान्सफॉर्मेशन ॲवॉर्ड 2025 खातीर भारतीय रिझर्व्ह बँकेची निवड केल्या. केंद्रीय बँकेक प्रवास आनी सारथी ह्या डिजिटल उपक्रमां खातीर पुरस्कार फावो जाल्यात. बँकेच्या in house पंगडान हीं विकसित केल्लीं. ह्या डिजिटल उपक्रमांक लागून कागदाचो वापर उणो जाला अशें पुरस्कार समितीन सांगलां.

**EPIC – 40**

मतदार फोटो वळखपत्र आनी आधार लिंक करपाच्या विशयाचेर चर्चा करपा खातीर मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी मंगळारा बसका आपयल्या. हे विशीं

मुखेल वेंचणूक आयुक्त गृह सचीव, विधी खात्याच्या सचीव आनी युआयडीएआयचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी हांचे कडेन चर्चा करतले अशें सूत्रांनी सांगलें.

**Hockey – 85**

भारताचो कर्णधार हरमनप्रीत सिंग आणि वरिष्ठ गोलकीपर सविता पुनिया हांका काल पुरुष आणि महिला गटात हॉकी इंडिया बलबीर सिंग सिनियर प्लेअर ऑफ द इयर पुरस्कार फावो जाला. दादल्यांच्या हॉकींत हरमनप्रीतान भारताक 2024 वर्सा पॅरिस ऑलिंपिकांत सेगीत दुसरें काश्या पदक मेळोवन दिले. टोकियो खेळां सर्तींत कांस्य पदक जिखपी पंगडाचोय तो भाग आशिल्लो.

**WPL – 80**

ब्रेबॉर्न स्टेडीयमाचेर काल जाल्ल्या  बायलांचे प्रिमीयर लिगचे (डब्ल्यूपीएल) फायनलींत मुंबय इंडियन्सान दिल्ली कॅपिटल्साक 8 धांवड्यांनी हारोवन दुसरे खेपे वस्तादपण जोडलें. जाल्यार दिल्ली कॅपिटल्साक तिसरे खेपे लेगीत उप वस्तादपणाचेर समाधान मानचें पडलें. पयली फलंदाजी करपी मुंबय इंडियन्सान निर्धारीत 20 ओव्हरींनी 7 विकेटी व्हगडावन 14९ धांवड्यो केल्यो. मुखेली हरमनप्रीत कौरान 44 बॉलांनी 66 धांवड्यांचो तेजस्वी डाव खेळ्ळो. ताका जाप दितना दिल्ली कॅपिटल्साक 20 ओव्हरींनी 9 विकेटी व्हगडावन 141 धांवड्यो करप शक्य जाल्यो. हरमीनप्रीत कौराक प्लेयर ऑफ द् मैच पुरस्कार फावो जालो.

**IMD – 85**

हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या वेगवेगळ्या सुवातींनी खर कालोराच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. आयज विदर्भ, छत्तीसगढ, झारखंड, उत्तर तेलंगणा आनी फुडले दोन दीस  , सौराष्ट्र आनी कच्छ हांगा  कालोराच्या  ल्हारांची शक्यताय आसा. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना आयएमडीचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ सोमा सेन रॉय हांणी सांगलें, आयज मेरेन ओडिशांत खर कालोराच्या  ल्हारांचो रेड अलर्ट जारी केला, जाल्यार फुडल्या दोन दिसां खातीर झारखंड आनी अस्तंत बंगाला खातीर हळडुवो अलर्ट जारी केला. तशेंच आयज उत्तराखंडांत आनी फुडल्या दोन दिसांत अरुणाचल प्रदेशांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.